मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी संसदेच्या दोनूय सभाघरात आपल्या अभिभाषणात सरकारच्या प्राधान्यक्रमांचेर उजवाड घालो.
- केंद्रिय सुक्ष्म ल्हान आनी मध्यम उद्देग मंत्री जीतन राम मांझी हांणी काल नवी दिल्लीत संवसारीक सुक्ष्म ल्हान आनी मध्यम उद्देग दिसा निमतान दोन नव्यो येवजण्यो केल्यो सुरु.
- नीट युजी परीक्षेतल्या गैरव्यवहाराच्या आरोपात केंद्रिय तपास ब्यूरो सीबीआयन दोन जणांक अटक केल्या.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी येता त्या आयतारा, ३० तारकेक सकाळी ११ वरांचेर आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळीत देश-विदेशातल्या लोकांकडेन संवाद सादतले.
- दादल्यांच्या आयसीसी संवसारीक कप टी-20 क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या दूस-या उपांत्य फेरीयेतल्या खेळात भारतान इंग्लंड पंगडाक ६८ धावंड्यानी हारोवन फायनलीत पावल घाले.

राष्ट्रपती - १५०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचे संसदेच्या दोनूंय सभाघरात अभिभाशण जाले. हेवेळाअर राश्ट्रपतीनी सरकारच्या प्राधान्यक्रमाचेर उजवाड घालो. फाटल्या १० वर्सात देश अर्थवेवस्थेत 11व्या सुवालेवेल्यान पाचव्या सुवालेर पावलो. संवसारातल्या वेगवेगळ्या वाठारातली महामारी आनी संघर्ष आसतानांय देशान हो पराक्रम घड्यलो, अशेय तांणी सांगले. भारताक संवसारातली तिसरी सगळ्यात व्हड अर्थव्यवस्था करपाचे काम सध्याचे सरकार करीत आसा, अशेंय राष्ट्रपतींनी सांगले. सुधारणा, कामगिरी आनी बदलाच्या संकल्पाक लागून आयज भारत

संवसारतलो सगळ्यात नेटान मुखार सरपी अर्थव्यवस्था आशिल्लो देश जाला. सरकार केंद्र उत्पादन, सेवा आनी शेतीक समान महत्त्व दिता, अशें अर्थव्यवस्था घटमूट करपाखातीर सरकारच्या पावलांचेर उजवाड घालताना राश्ट्रपती मुर्मू हांणी म्हळे. माहिती तंत्रगिज्ञान ते पर्यटनामेरेन आनी भलायकी ते निरोगीपणामेरेन दरेका क्षेत्रात देश आघाडीचेर आसा आनी ताकालागून व्हडा प्रमाणात रोजगार आनी नव्या स्वयंरोजगाराच्यो संद निर्माण जायत आसात, अशेंय तांणी सांगले. सरकार नैसर्गिक शेती आनी संबंधित उत्पादनांची पुरवण घटमूट करीत आसा. सरकारान अक्षय ऊर्जा क्षमताय वाडयला अशें हरित उपक्रमांविशी, उलयताना राष्ट्रपतीनी म्हळे. फाटल्या 10 वर्सांत ईशान्य क्षेत्रातल्या उदरगतीखातीरचे वाटप चार पटीनी वाडल्या अशेंय राश्ट्रपतीनी आपल्या अभिभाषणात सांगले.

पेपर LEAK: 120

हालींच पेपर लिकच्या प्रकरणांतल्या गुन्यांवकारांक नितळ चवकशी करपाक आनी खर ख्यास्त दिवपाची खात्री करपाक सरकार कटिबद्ध आसा सा/अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयेज स्पश्ट केलें. संसदेच्या संयुक्त बसकेत दिल्ल्या भाषणात तिणें सांगलें, पक्षाच्या राजकारणा वयल्यान वयर सरप आनी अशी घडणुको तपासपा खातीर -જો નાગી देशभरांत ठोस उपाय करप म्हत्वाचें परिक्षे संबंदीत સથ માટેવળ संस्थांनी, तांचें कामकाज, परिक्षा प्रक्रियेच्या सगळ्या आंगांनी / सुदारणा करपा खातीर सरकार वावुरता अशेंदर तिणें सांगलें परिक्षेत अन्यायी साधनां आडय संसदेन खर कायदो केला अशें विणें सांगलें/ वेगवेगळ्या राज्यांनी पेपर लिकच्या जावपाच्यो जायत्यो घडणुको पयलीं घडल्यात आनी देशांतल्या तरणाट्यांक आपली प्रतिभा दाखोवपाची योग्य संद दिवप हो सरकाराचो सातत्यान यत्न आसा अशें लिणें सांगलें. स्पर्धात्मक परिक्षा आसूं वा सरकारी भरती आसूं कसलीच आडमेळी येवपाक कारण आसूंक फावना/आनी हे

प्रक्रियेत पुराय पारदर्शकता आनी प्रामाणीकपणाची गरज आसा/अशें गाची/ गर राष्ट्रपतीन सांगलें

PRESIDENT SPEECH OPPOSITIONSW REACTIONS 110

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणि संसदेच्या संयुक्त बसकेंत केल्ल्या अभिभाषणाचेर अर्थज विरोधकांनी टीका केली. संसदेबाहेर का आपर पत्रकारानकडेन उलयतना काँग्रेस खासदार तारिक अन्वर हाणि ह्या भाषणात गरिबी 294 खऱ्या म्हारगाय आनि बेरोजगारी व्यासाक्ा व्यासाक्यों मुद्द्यांकडेन दुर्लक्ष केला आनि फकत सरकारच्या बैयौं कामाचेर उजवाड घालपाचेर भर दिला अशे सांगले आनि एक कोंग्रेस्स फुडारि। प्रमोद तिवारी हाणि भाशणांत कायच नवीन ना अशे सांगले. ^ समाजवादी पक्षाचे फुडारि अखिलेश हाणि, सरकार संवसारातलि पाचवि सगळ्यांत व्हड अर्थव्यवस्था/थारपाविशि उलयता 1/पुण पुण हाँगा आसात / अशे सांगले / व्हड प्रमाणात बेरोजगारी आसा आनि शेतकार त्रासांत आसात जाल्यार काय हाँक लोकांकच फायदो जाता अग्निवीर योजनेच्या अमलबजावणीविशिय ताणि सरकाराक प्रस्न TMC केलो. टीएमसी खासदार महुआ मोईत्रा हाणिय राष्ट्रपतींच्या अभिभाषणाचेर प्रश्न विचाल्लो आनि ते फकत सरकारी दस्तऐवज आसा अशे म्हळे.

STORY

केंद्रीय सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग मंत्री जीतन राम मांझी हांणी काल नवी दिल्लीत संवसारीक सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग दिसा निमतान दोन नव्यो येवजण्यो सुरु केल्यो. 'सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग टीम' (MSME TEAM) उपक्रमांखाला डिजिटल वेवसायां खातीर उक्ते नेटवर्का खातीर पांच लाख सूक्ष्म आनी ल्हान उद्देगांक सुविधा दिवपाचो हेतू आसा. मजगतीं, बायलां मालकीच्या

अनौपचारीक सूक्ष्म उद्देगांक औपचारीकीकरण करपा खातीर आनी गरजेचो आदार तशेच मजत दिवपा खातीर 'यशस्विणी' मोहिमेंत भौशीक जागृताय करपाचेर भर दिला. 'उदयमी भारत' कार्यावळीत उलोवप करतना मंत्री मांझी हांणी खासा करून गांवगिऱ्या आनी पयसुल्ल्या वाठारांनी समावेशक आनी केंद्रीत यत्नांचे म्हत्व सांगलें. चालू आशिल्ल्या सरकारी सुदारणांचो एक वांटो म्हूण सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग वाठारांतली कायदेशीर सुदारणा वाडपाक उत्प्रेरक म्हणून काम करतली अशें तांणी उक्तायलें. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना अर्थीक नदरेन चड वंचित फाटभूय आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर उदरगत उद्देजकतेक पोसवण दिवपाचेर आदारिल्ली आसा हांचेर मंत्री मांझी हांणी भर दिलो.

PG NET: 45

नीट-यूजी / परिक्षेतल्या गैरवेव्हाराच्या आरोपांत केंद्रीय तपास ब्युरोन्न दोग CBIN (सीबीआय) दोन जाणांक अटक केल्या. दोगूय आरोपींक बिहारांतल्या पाटणांतल्यान अटक केल्या अशें अधिकृत सुत्रांनी सांगलें./नीट-यूजी पेपर लीक प्रकरणाची चवकशी / औपचारीकपणान हातांत घेतिल्ल्या सीबीआयन सोमारा बिहार पुलिसांच्या/ अर्थीक गुन्यांव युनिटाच्या कार्यालयांत भेट दिवन हे संबंदी चवकशी सुरू केली.

ओम बिर्ला : 45

संसद घरातल्या लोकसभेच्या अध्यक्ष ओम बिर्लाक होदो औयज ताच्या चेंबरांत विरोधी फुडाऱ्यांनी, भेट घेतली. हे बसकेंत काँग्रेसीचो फुडारी आनी लोकसभेतलो विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी, टीएमसीचे खासदार कल्याण बॅनर्जी, राकांपाचे

सुप्रिया सुले (शरद पवार), समाजवादी पक्षाचे डिंपल यादव, राजदचे मिसा भारती आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले.

Bihar PM: 60

बिहारांतल्या जनता दलाच्या (संयुक्त) खासदारांचें शिश्टमंडळ आयज संसद घरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक भेट घेतली / प्रसार मद्यामांचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, भाजपा आनी जदयू हांचो एकठांय काम करपाचो आनी बिहारांत वायट शासन, भ्रश्टाचार आनी गुन्यांवकारीपण हांचे आड झुजपाचो बरोच इतिहास आसा. तांणी म्हणलें, मुख्यमंत्री नीतीश कुमाराच्या फुडारपणान बिहाराक उदरगतीच्या मार्गाच्चर व्हेला, बऱ्या प्रशासना खातीर दोनूय पक्ष एकठांय येवन वावुरतले अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें

BIHAR OATH: 50

बिहार, झारखंड आनी मध्य प्रदेशांतल्या स नव्यान वेंचून आयिल्ल्या खासदारांनी आयज राज्यसभेचे वांगडी म्हूण सोपूत घेतलो. राज्यसभा अध्यक्ष जगदीप धनखरान/ह्या सेवकारले व्या खासदारांक सोपूत घेतलो. काँग्रेसीच्चों के खासदार अखिलेश प्रसाद सिंग, डॉ सरफराज अहमद आनी भाजपाचे प्रदीप कुमार वर्मा, बंशीलाल गुर्जर, माया नरोलिया आनी बालोयोगी उमेश्नाथ हांणीय वयल्या राभापराचे वांगडी म्हणून सोपूत घेतलो

KERALA RAIN

केरळांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाक लागला राज्यभरांत पावसाक लागुन व्हड प्रमाणांत लुकसाण/जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळ्या. आयेज 2 जिल्ह्यांखातिर / ऑरेंज अलर्ट आनी जिल्ह्यांनी येलो अलर्ट जारी केला.

प्रधानमंत्री मन की बात - ७०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या, आयतारा, ३० तारकेक सकाळी ११ वरांचेर आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळीत देश-विदेशातल्या लोकांकडेन संवाद सादतले. हो तांच्या म्हयन्याळी कार्यावळीचो १११वो वाटो आसतलो. हाचे प्रसारण आकाशवाणी आनी दूरदर्शनच्या सगळ्या चैनलांचेर जातले आनी ही कार्यावळ आकाशवाणी खबरांची वेब-साइट www.newsonair.com आनी newsonair मोबाइल ऐपाचेर लेगित वितरायतले. तशेच आकाशवाणी, दूरदर्शन, पी एम ओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या यू-ट्यूब चैनलाचेर लेगित थेट प्रसारित जातली. राती आठ वरांचेर थळाव्या भाषेत ही कार्यावळ परतून प्रसारित करतले.

क्रिकेट- १२०

दादल्यांच्या आयसीसी संवसारीक कप टी-20 क्रिकेट सर्तीत काल राती गयानात भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी जाल्ल्या दूस-या उपांत्य फेरीयेतल्या खेळात भारतान इंग्लंड पंगडाक ६८ धावंड्यानी हारोवन फायनलीत पावल घाले. इंग्लंड पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. निर्धारीत २० शटकात भारतान ७ बाद १७१ धावंड्यो केल्यो. भारताचो कर्णधार रोहित शर्मान परतून एक फावट बेसबरो खेळ करताना ५७ धावंड्यो केल्यो. सुर्यकुमार यादव हांणे ४७ धावंड्यांचे योगदान दिले. इंग्लंड पंगडामुखार जैताखातीर १७२ धावंड्यांचे मोख आशिल्ले. पूण इंग्लंड पंगडाचो डाव १६.४ शटकात १०३ धावंडयात सोपलो. अक्षर पटेल आनी कुलदीप यादव हांणी ३-३ गडे बाद केले. जाल्यार बुमरान दोन गडे बाद केले. आता भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी फाल्या शेनवारा, २९ जूनाक निमणो खेळ जातलो. हो खेळ बार्बाडोसात जातलो. भारतीय वेळेप्रमाण राती ८ वरांचेर हो खेळ सुरु जातलो.

किरण पहल ७०

भारतीय ट्रॅक अॅथलीट किरण पहल फुडल्या महिन्यात जावपी बायलांच्या 400 मीटर सर्तीत पॅरिस ऑलिम्पिकखातीर पात्र थारल्या. हरियाणाच्या किरण पहल हिणे काल पंचकुलात सुरु आशिल्या राष्ट्रीय आंतरराज्य वरिष्ठ ऍथलेटिक्स चॅम्पियनशिप सर्तीत उपांत्य फेरीत 50.92 सेकंदांची वेळ नोंद केली.

जकार्तात 2018 आशियाई खेळांनी 50.79 सेकंदांचो राष्ट्रीय विक्रम प्रस्थापित करपी हिमा दास उपरांत किरण बायलांच्या 400 मीटर सर्तीत दुसरी सगळ्यात वेगवान भारतीय धावपटू थारली. बायलांच्या 400 मीटर सर्तीतली निमणी फेरी आयज जातली.